**मुख्यमंत्री**

गोंयच्या पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचे संवर्धन करपाक आनी वाडोवपाक खऱ्या अर्थान प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी हांगा सचिवालयात म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान प्रकाशीत केल्ल्या 'गोवा अन्नसंस्कृती' ह्या मराठी पुस्तकाचे प्रकाशन केल्या उपरांत उलयतना सांगलें.पद्मश्री पुरस्कार जैतिवंत श्री. विनायक खेडेकर हांणी गोंयच्या पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचेर हे पुस्तक बरयला. आधुनिकीकरणाक लागून गोंयची पारंपरीक खाद्य संस्कृती फाटी पडपाक लागल्या आनी अशा वेळार श्री. खेडेकर हांणी बरयिल्लें हे पुस्तक गोंयची पारंपरीक पाकशास्त्र आनी खाद्य संस्कृती सांबाळपाक उपेगी थारतले. गोंयच्या तरणाट्या पिळगेन हे पुस्तक वाचपाक जाय आनी ताचो उपेग आपल्या दिसपट्टे जीणेत करून पारंपरीक पाकसंस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें, हे पुस्तक गोंयच्या अन्न संस्कृतीचेर उजवाड घालता. गोंयची खाद्य संस्कृती तांदूळ, नाल्ल, नुस्ते आनी हेर पारंपरीक पिकावळ आनी अन्न जीन्नसांकडेन जोडिल्ली आसा आनी हे अन्न जीन्नस आमच्या समृद्ध सामाजीक आनी सांस्कृतूक वारशाचे प्रतिबिंब आसा. गोंयच्या पारंपरीक अन्न संस्कृतीचे संवर्धन करपा खातीर पर्यटन मळाचेर आवश्यक उपाय करपाचेर आनी उपक्रम राबोवपाचेर भर दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.नामनेच्यो लेखीका आनी सामाजीक कार्यकर्त्यो श्रीमती शुभदा सवाईकर हांणी आपल्या उलोवपात श्री. खेडेकर हांणी गोंयांत शेकड्यांनी वर्सां सावन प्रचलीत आशिल्ल्या पारंपरीक खाद्यसंस्कृतीचो अभ्यास करून हे पुस्तक बरयिल्ल्याचें सांगून युवा पिळगेन हे पुस्तक वाचून गोंयची समृद्ध अन्नसंस्कृती, कृशी पद्धत आनी पाकशास्त्राचे म्हत्व जाणून घेवपाचे आवाहन केले.म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे माहिती अधिकारी श्री. किरण मुननकर हांणी येवकाराचे उलवप केले. सहाय्यक माहिती अधिकारी श्री. श्याम गावकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. सिद्धी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. श्री. विनायक खेडेकर हांणी उपकार मानले.

**एसआयआरच्या दुसऱ्या पावंड्याच्या प्रक्रियेविशी राजकीय पक्षांक मार्गदर्शन**

मडगाव: एसआयआर म्हळ्यारच मतदार वळेरी पुनरावलोकन या प्रक्रियेचो दुसरो पावंडो सुरु जाल्ला े अ ासून आयज दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींची एक बसका आपोवन ही प्रक्रिया कशी आसतली ह्याविशी मार्गदर्शन केले. ही प्रक्रिया म्हणजे नेमके किते आनी ताची अंमलबजावणी कशी जातली हाची म्हायती राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधीक दिली. ह्यावेळार बीएलए आनी बीएलओ ते कशे काम करतले हेविशी मार्गदर्शन केले. हे बसकेक भारतीय जनता पक्षावतीन नवीन रायकार जाल्यार कॉँग्रेस पक्षावतीन सावियो कुतिन्हो आनी चिराग नायक हे हाजीर आशिल्ले.आयज जिल्होधिकारी क्लिटस हांणी आनीक एक बसका घेवन राना अधिकार कायद्याखाला आयिल्ल्या अर्जांचीय पळोवणी केली.

**कंत्राटी मुजतवाड**

तरेकवार खात्यातल्या कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक मुजतवाड दिवपाची परवानगी सरकारान दिल्या. खात्यांक तांचे कडेन 31 ऑक्टोबर 2025 मेरेन कंत्राटाचेर आशिल्ल्या एमटीएस कर्मचाऱ्यांक खात्याचे गरजे प्रमाण वा चडांत चड ३१ ऑक्टोबर २०२६ मेरेन मुजतवाड

दिवपाक मेळटली. कार्मीक खात्यान हालींच हे विशीं आदेश जारी केला. कंत्राटी नियुक्त्यांक मुजतवाड दिवचे पयलीं खात्याच्या मुखेल्यांनी मंजूर सुवातेवेली रिती सुवात नेमान भरपा खातीर गोंय कर्मचारी निवड आयोग, गोंय लोकसेवा आयोगाकडेन धाडटले, हाची खात्री करप आवश्यक आसा. पीऊन, ड्रायव्हर, एलडीसी, डेटा एंट्री ऑपरेटर, स्टेनोग्राफर हांका मुजतवाड मेळटली.

**भक्ती गीत गायन सर्त**

कार्तिकी एकादशी निमतान श्री साई कृपा धाम मंडळ आनी कलासागर सांस्कृतीक केंद्र शिरोडा हांणी आयोजीत केल्ली तिसरी अखिल गोंय भक्ती गीत गायन सर्त शेनवारा 1 नोव्हेंबर 2025 दिसा दनपारां 2 ते 7 वरां मजगतीं जातली. पयली नोंदणी करपी फकत 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो. ही सर्त धा ते वीस वर्सां पिरायेच्या चले-चलयां खातीर उक्ती आसा.दरेकल्यान साई कृपा धाम मंडळ साई बाबा देवळांत 50 रुपया प्रवेश शुल्क भरून आपलीं नांवां नोंद करचीं.हे सर्ती खातीर रू3000 पयले इनाम, रु. 2500 दुसरे, रु. 2000 तिसरे आनी दरेकीं रू 1000 हजार ची पाच उर्बा वडोवपी इनामा दितले आनी वांटो घेतिल्ल्या 25 सर्तकांक प्रमाणपत्र दितले. ही सर्त यशस्वी करपाक सहकार करचे अशे साई कृपा धाम आनी कलासागराचे अध्यक्ष नितीन जांबलीकार हांणी कळीत केला.

**कोंकणी नाटक सर्त**

काल अकादेमीची भांगरा महोत्सवी कोंकणी नाटक सर्त काल सुरू जाली. फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत चालू आशिल्ले हे सर्तींत अठरा पंगडांनी वांटो घेतला. सर्तीच्या उक्तावण सुवाळ्याक कला अकादमीचे वांगडी सचीव शंकर गांवकार हाजीर आशिल्ले. ही सर्त यशस्वी करतल्या सगल्या सर्तकांचे ताणें उपकार मानले. कला अकादेमीच्या भांगरा महोत्सव सर्तींचे परीक्षण सुरवात सावन सर्तींत वांटो घेतिल्ले कलाकाराच करतात अशें कार्यावळ अधिकारी प्रदीप गांवकार हांणी सांगलें. उक्तावण सुवाळ्याचे सूत्रसंचालन संजीव झर्मेकार हांणी केलें. हे सर्ती विशीं प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना नामनेचे ज्येष्ठ रंगकर्मी श्रीधर कामत बांबोळकार हांणी ह्या भांगरा उत्सवी सर्तीविशी आपली प्रतिक्रिया उक्तायली.. (बाइट - श्रीधर कामत बांबोळकर)

**'गिरायक जागृताय**

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान गिरायक जागृताय ह्या विशयाचेर राज्य पांवड्यावेली आंतर उच्च माध्यमिक वक्तृत्व सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त ऑनलायन जातली. सर्त 27 ऑक्टोबर ते 7 नोव्हेंबर मेरेन उक्ती आसतली अशी म्हायती नागरी पुरवण खात्यान दिल्या. णवी ते बारावी मेरेनच्या भुरग्यांखातीर जावपी हे वक्तृत्व सर्तींत आयोजकांनी सहभागी विद्यार्थ्यांक आपलें भाशण रेकॉर्ड करून शाळेच्या प्राचार्या वरवीं नागरी पुरवण खात्याक धाडचें अशें आवाहन केलां. हे सर्तीचो विशय : 'गिरायक जागृताय विशयाचेर तरणाट्यांची भुमिका ' असो आसा. हे सर्तीचो आनीक एक विशय ' गिरायक संरक्षणा खातीर डिजिटल प्लॅटफॉर्म ' असो आसा. 7 नोव्हेंबर उपरांत अर्ज स्विकारचे नात अशी म्हायती राज्य सरकाराच्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान दिल्या.

**विजेचे दर**

घरगुती गिरायकां खातीर फक्त 5 टक्के वीज दरवाड जाल्या. तशेंच वेळे प्रमाण (टीओडी) वीज दर घरगुती गिरायकां खातीर लागू करपाचो प्रस्ताव ना. स्मार्ट मिटर बसयले उपरांत हाचेर विचार जातलो अशें वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी म्हणला. सोमारा पत्रकार परिशदेत ते उलयताले. हया वेळार मुखेल वीज अभियंते स्टिफन फर्नांडीस हाजीर आसले. जोड वीज नियमन आयोगान  मान्यताय दिले उपरांत ऑक्टोबर सावन घरगुती विजेचे दर वाडल्या. ही दरवाड 5 टक्के आसा. 100 युनिटा मेरेन पयली 1.90 रुपया प्रती युनीट दर आसलो तो आता 1.95 रुपया जाला. ही वाड 2.6 टक्के आसा. 101 ते 200 युनिटा मेरेन पयली 2.80 रुपया दर आसलो तो आतां युनिटा फाटल्यान 2.90 रुपया जाला. 201 ते 300 युनिटा मेरेन 3.70 रुपया बदला आतां 3.90 रुपया दर आसतलो. 301 ते 400 युनिटा मेरेन 4.9 रुपयांच्या जाग्यार आतां 5.15 रुपया फारीक करचे पडटले. ही वाड 5 टक्के आसा. 401 युनिटा वयर 5.80 रुपयांच्या जाग्यार 6.2 रुपया दर आसतलो. ही वाड 6.9 टक्के आसा. उद्देगां खातीर टीओडी लागू जाला, अशें वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी सांगलें.

**बुध्दिबळ**

बेळगांवांत जाल्ल्या   सतीश अण्णा  ऑल इंडिया ओपन फिडे रँकिंग बुध्दिबळ सर्तींत गोंयचो आंतरराष्ट्रीय मास्टर बुध्दिबळ खेळगडो अमेय अवदी हाणे बरी  कामगिरी दर्शयली . ताणें हेर स खेळगड्या वांगडा पयलो क्रमांक वांटून घेतलो, पूण टायब्रेकर गुणांत  तो उपविजेतो थारलो . अमेय, सर्तींत सव्या क्रमांकाचेर आशिल्लो. ताणें णव फेरयेंतल्यान आठ गूण मेळयले. आयएम श्रीजीत पॉल, आयएम एस रवी तेज,वूमन कँडिडेट मास्टर प्रति बोर्दोलोई हया मुखेल खेळगड्यांक ताणें हारयले. महाराष्ट्राचो आयएम मोहम्मद नुबेरशाह शेख हो सर्तीचो विजेतो थारलो , जाल्यार श्रीजीत पॉल हाणें तिसरे क्रमांक पटकायले . सुयोग वाघ, गोंयचे आयएम नीतीश बेलूरकार चवत्या जाल्यार श्रीराज भोसले   सातव्या सुवातेर आयलो . हया सर्तींत देशभरांतल्यान 604 बुध्दिबळ खेळगड्यानी वांटो घेतिल्लो.